**प्रयोगसांज कार्यक्रमात शेनवारा "अमिना आपा का रेडिओ "**

ता. 23 डिसेंबर 2020

कला आनी संस्कृती संचालनालयान प्रयोगसांज कार्यक्रमात शेनवार ता. 26 डिसेंबर 2020

दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर संस्कृती भवनात **"अमिना आपा का रेडिओ " ह्या हिंदी एकपात्री** नाटकाचो प्रयोग आयोजीत केला..

निशाद पणजी-गोंय हांचे वतीन हो प्रयोग जातलो. हे नाटक प्रो. अफसर हुस्सेन हांणी बरयला आनी श्री. दिपक आमोणकर हांणी दिग्दर्शित केला. प्रो. अफसर हुस्सेन एकपात्री सादरीकरण करतले. ह्या नाटकाची रंगमाची मांडावळ श्री. योगेश कापडी, उजवाडा येवजण श्री. दिपक आमोणकर आनी पार्श्वसंगीत श्री. प्रसाद कळंगुटकर हांचे आसा.

सरकारान सांस्कृतिक कार्यावळीं आयोजीत करपा खातीर लागू केल्ल्या एसओपीक आनी मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवन हो प्रयोग आयोजीक करतले. ह्या प्रयोगाक पयली येवप्यांक पयली हे प्रमाण 60 ते 70 प्रेक्षकांक प्रवेश दिवपात येतलो आनी सामाजिक अंतर राखप, सॅनिटायजेशन, मास्क घालप अशां नेमांक पाळो दिवपात येतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/753

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji